**<u>पर्यटन मंत्र्याचे हस्तुकीं वारखंड हांगा बाल भवन केंद्राचे उक्तावण</u>**

पणजीः ता. १७ ऑक्टोंबर २०१८
आश्विन २५, १९४०

पर्यटन मंत्री मनोहर ऊर्फ बाबू आजगांवकार हांच्या हस्तुकीं वारखंड पेडणें हांगा बाल भवन केंद्राचे काल उक्तावण जाले. उक्तावण कार्यक्रमाक उलयतना श्री. आजगांवकरान म्हटले, प्रत्येक व्यक्ति कडेन वेगवेगळी प्रतिभा आसता आनी पेडणेच्या लोकांक जल्मताच कला, संगीत, खेळ ह्या साबार क्षेत्रांची देणगी मेळिल्ली आसा. पालकांनी आनी भुरग्यांनी आपल्या कलात्मकता आनी प्रतिभा दाखोवपाक बाल भवन केंद्राचो चडांत चड उपेग करचो असो उलो मारलो.

बाल भवनाच्यो अध्यक्षा डॉ. शितल नाईक हांणी ह्या वेळार उलयतना म्हटले,
गांवगिऱ्या वाठारांतल्या भुरग्यांक समान संधी मेळची म्हूण गोंयच्या वेगवेगळया वाठारांनी बाल भवन केंद्रा उक्ती केल्ली आसा. भुरग्या मदीं आशिल्ल्या प्रतिभेचो कला आनी खेळां वरवीं विकास जावचो असो बाल भवनाचो हेत जावन आसा. तशेंच भुरग्यांची हाजिरी बाल भवन केद्राचेर गरजेची आसा आनी पालकांनी तांच्या भुरग्यांक प्रतिभा दाखोवपाक बाल भवन केंद्रात धाडचें अशें फुडें उलयतना सांगले.

वारखंडचे सरपंच श्री. प्रदिप कांबळी, देवस्थान अध्यक्ष श्री. बाबलो परब, श्रीमती देवबाला भिसे, श्री. विश्वभंर गावस, श्रीमती हेमांगी गोलतकर, श्रीमती अनिता रायकार, बाल भवनाचे मंडळ वांगडी श्री. सुधीर मळीक ह्या वेळार हाजीर आसले.

श्री. शशिकांत पुनाजी हांणी सुत्रसंचालन केले जाल्यार शांतादुर्गा स्पोर्टस आनी कल्चरल क्लबांचे अध्यक्ष श्री. आनंद परब हांणी उपकाराचे उलोवप केले.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१६६७